Panaji National news १७.06२०२६ @ ८.४० देवश्री कामत

- जी-7 शिखर परिषद आता अत्यंत महत्त्वाच्या पांवड्यार पावल्या  आनी फ्रेंच शार एव्हियन संवसारीक मुत्सद्देगिरीचें केंद्र जालां
- जी-7 राश्ट्रांनी भारता सयत जायत्या भागीदार देशांच्या सहकार्यान जागतीक भलायकी आनी उदरगत सहकार घटमूट करपा खातीर उपक्रमांची माळ जाहीर केल्या
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षतेखाला  जाले बसकेत 'किशाऊ बहुउद्देशीय धरण प्रकल्प' विशीं स राज्यां मदीं एकमत जाली.
- अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघान काल 'AIFF अंडर-17 बायलां युथ लीग'ची पयली आवृत्ती जाहीर केली

G 7

जी-7 शिखर परिषद आता अत्यंत महत्त्वाच्या पांवड्यार पावल्या  आनी फ्रेंच शार एव्हियन संवसारीक मुत्सद्देगिरीचें केंद्र जालां. भारतान 'भागीदार देश' म्हूण वांटो घेतिल्ल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचे मदीं आयज जावपी म्हत्वाच्या द्विपक्षीय बसकेकडे सगळयांची  नदर आसा.

फेब्रुवारी २०२५ वर्सा वॉशिंग्टन डी.सी. हांगा जाल्या भेटी उपरांत दोगा मदली हि पय्ली प्रत्यक्ष भेट. आज परस्पर हिताच्या म्हत्वाच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेरूय चर्चा जाव्पाची अपेक्षा आसा.

काल फ्रांसाच्या एव्हियनांत चालू आशिल्ल्या जी-7 शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी व्हड प्रमाणांत मुत्सद्दी हाल/चाली केल्यो आनी कॅनडा, युनायटेड किंगडम आनी युनायटेड अरब अमीरात ह्या देशांच्या फुडाऱ्यां कडेन द्विपक्षीय बसका घेतल्यो. तशेंच ते हेर जायत्या देशांच्या फुडाऱ्यांक मेळळे आनी संवाद सादलो. परराश्ट्र मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण प्रधानमंत्री मोदी आनी तांचे  कॅनडियन समपदस्थ  मार्क कार्नी हांचे मदीं जाल्ले बसकेंत भारत-कॅनडा संबंदांतल्या सकारात्मक गतीक येवकार दिलो आनी फुडाराक धोरणात्मक भागीदारी तयार करपाची वचनबद्धताय परतून सांगली. ब्रिटीश प्रधानमंत्री कीर  स्टारमर हांचे कडेन जाल्ले बसकेंत प्रधानमंत्री मोदी हांणी 'व्हिजन 2035' खाला भारत-ब्रिटन संबंदांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. तशेच  प्रधानमंत्री मोदी हांणी युएईचे राष्ट्राध्यक्ष शेख मोहम्मद बिन जायद अल नहयान हांचीय

भेट घेतली. आणि जपानचे प्रधानमंत्री सानाए ताकाइची हांचे कडेन जाल्ले बसकेंत प्रधानमंत्री मोदी हांणी भारत आनी जपान हांचे संबंद वेगवेगळया क्षेत्रांनी घटमूट करतले, वेपार आनी गुंतवणूक हांकां प्राधान्य दितले हाचेर भर दिलो.

मोदी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल फ्रांसांतल्या एव्हियनांत जाल्ल्या जी-7 शिखर सभेंत 'नवी भागीदारी तयार करप आनी आंतरराष्ट्रीय एकता पुनर्स्थापित करप' ह्या विशयाचेर 'आउटरीच सत्राक ' उलोवप केलें. परराश्ट्र मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण अधिवेशनांत प्रधानमंत्र्यान आंतरराष्ट्रीय भागीदारी तयार करपा खातीर खास करून चडांत चड परस्पर संबंदीत संवसारांत. 'विश्वासा'चे म्हत्व अधोरेखित केले , भारतान सदांच मानवता पयली' पद्दत आपणायल्या अशेंय प्रधानमंत्र्यान बसकेंत नदरेक हाडलें. आंतरराष्ट्रीय सौर आघाडी, आपत्ती-प्रतिरोधक पायाभूत सुविधांखातीर आघाडी, 'जागतिक जैव-इंधन आघाडी, 'मिशन लायफ' आनी 'एक पेड माँ के नाम' मोहिमेक लागून भारताच्या उपक्रमांतल्यान हें स्पश्ट जाता अशें तांणी सांगलें. आंतरराष्ट्रीय भागीदारी विशीं भारताचो दृष्टीकोन 'वसुधैव कुटूबकम' - म्हळयार 'पुराय संवसार एक कुटुंब' ह्या शाश्वत तत्वगिन्यानाचेर आदारिल्लो आसा.

भारताच्या समावेशी आनी टिकावू उदरगती विशीं उलयतना मोदी हांणी स्पश्ट केलें की "सर्व जन हिताय, सर्व जन सुखाय" ह्या मंत्रान अर्थीक समावेश, भलायकी सुरक्षा, डिजिटल अस्मिताय, तंत्रगिन्यानाच्या माध्यमांतल्यान लोकांक सशक्तीकरण आनी बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगत साध्य करपाक उल्लेखनीय परिणाम दाखयल्यात.

जी 7

जी-7 राश्ट्रांनी भारता सयत जायत्या भागीदार देशांच्या सहकार्यान जागतीक भलायकी आनी उदरगत सहकार घटमूट करपा खातीर उपक्रमांची माळ जाहीर केल्या. डेमोक्रॅटिक रिपब्लिक ऑफ काँगो आनी युगांडाच्या फुडारयानी परतून उपरास्पी इबोलाच्या उद्रेकाक समन्वित आंतरराष्ट्रीय प्रतिसाद दिवपाचो उलो मारला. संपर्क ट्रेसिंग, शिमेचेर पळोवणी आनी समाजीक वावर अशा वाडट्या उपाय/योजनांच्या आवाहनात भारत, इजिप्त, केनिया आनी दक्षिण कोरिया हांणी वांटो घेतलो. तशेंच इबोलाच्या दुर्मिळ प्रकारा खातीर लस, निदान आनी उपचार तयार

करपाक आदार दिवपाचें उतर फुडाऱ्यांनी दिलें. जी-7 न कॅन्सरा आड संवसारीक झुजाक गती दिवपाची वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केलो. भारत आनी ब्राझील सयत भागीदार देशांच्या आदारान फुडाऱ्यांनी आळाबंदा हाडप, बेगीन निदान करप आनी दर्जेदार भलायकी सेवा मेळप हाचेर भर दिलो आनी कॅन्सराच्या संशोधनांत चड सहकार्याचो आनी उदेत्या तंत्रगिन्यानाचो जबाबदार वापर करपाचो उलो मारलो.

बिर्ला

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला यांनी लोकशाहीत लोकांचो अधिक सहभाग आसपाच्या महत्त्वाचेर भर दिला . नवी दिल्लीत 'विकसित भारत युवा संसद २०२६' तल्या सहभागींकडे संवाद साधताना बिर्ला हांणी म्हणाले की, प्रचंड लोकसंख्या, वेगवेगळी संस्कृती आणि भिन्न भौगोलिक परिस्थिती असूनय, स्वातंत्र्या उपरांत वाढत्या जनसहभागान आमचो देश जगातली सगळ्यात व्हड लोकशाय म्हणून उदेला. लोकशाय ही देशाच्या कार्यसंस्कृतीची आणि विचारप्रक्रियेचो अविभाज्य भाग अशेय त्यांनी नमूद केले.

पुण्यमुर्थी

म्ल्ल्म हंगाचे डॉ पुण्यामुरथी नटेशन हे हॉकी खेळाडू पुन ते एक मुखेल शास्त्रज्ञ, पशुवैजकी क्लिनीकल फार्मा/कोलॉजिस्ट आनी लोक-पशु/चिकित्सा फार्मा/कोलॉजी मळावेले मुखेल तज्ञ. पारंपारीक गिन्यान पद्दतींचो आर्विल्ल्या पशुवैजकी पद्दतींकडेन जोडपाक ताणी चार दशकांपरस चड काळ केल्ल्या अथक यत्नांक लागून हजारांनी शेतकार आनी पशुवैजकी लोकांक थेट फायदो जाला, आनी सुक्ष्म/जंतू/नाशक प्रतिकार/शक्ती/विशीं राश्ट्रीय धोरणां तयार करपाकय मदत जाल्या. हेच खातीर तांका २०२६ वरसांचो भारताचो सर्वोच नागरी पुरस्कार पद्मश्री फाव जाला

शह

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षतेखाला काल नवी दिल्लींत म्हत्वाची बसका जाली. हातूंत यमुना न्हंयच्या पुनरुज्जीवना खातीर बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ल्या ‘किशाऊ बहुउद्देशीय धरण प्रकल्प’ विशीं स राज्यां मदीं एकमत जाली. गृह मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण हो प्रकल्प चालीक लावपा खातीर हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, दिल्ली, उत्तर प्रदेश, हरियाणा आनी राजस्थान राज्यांनी समजीकायेच्या कबलातीचेर सय करपाक मान्यताय दिल्या. ही

कबलात केल्या उपरांत किशाऊ प्रकल्पाक मान्यताये खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळा मुखार मांडटले. थारायिल्ल्या अर्थीक तरतुदी प्रमाण केंद्र सरकार प्रकल्पाच्या उदका घटका खातीर 90 टक्के अर्थीक मजत दितलें, जाल्यार उरिल्ल्या 10 टक्के खर्च संबंदीत स राज्यांनी वांटून घेतली . तशेंच वीज निर्मिती घटकाचो खर्च उखलचे बदला हिमाचल प्रदेशाक दिल्लें उदक दिल्ली आनी राजस्थानाक पुरवण करपाचो निर्णय घेतला. हो निर्णय निवळ आनी निर्मळ यमुनेच्या दिशेन एक महत्त्वपूर्ण पावल थारतलें, कारण हाका लागून न्हंयत निवळ उदकाचो प्रवाह वाडोवपाक मजत जातली अशें मंत्रालयान सांगलां.

फुटबॉल

अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघान काल 'AIFF सतरा वरसा सकयल्या बायलां युथ लीग'ची पयली आवृत्ती जाहीर केली. फुडल्या म्हयन्याच्या 18 तारखेक छत्तीसगडांतल्या नारायणपूर हांगाच्या आरकेएम फुटबॉल अकादेमींत ही सर्त सुरू जातली; भारतांतल्या बायलांच्या युवा क्लब फुटबॉला खातीर हो इतिहासीक मार्गदर्शक फातर थारतलो.

Imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांतल्या काय सुवातानी पावस पडपाचो अदमास काडला.

आयज छत्तीसगड, तेलंगणा आनी विदर्भांतल्या कांय वाठारांनी उश्णताएचे ल्हार चालूच उरपाची शक्यताय आसा. तशेंच दर्यादेग आंध्र प्रदेश, अस्तंत बंगाल, कोंकण, गोंय आनी ओडिशा हांगा आयज हवामान उश्णआनी दमट उरपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- जी-7 शिखर परिषद आता अत्यंत महत्त्वाच्या पांवड्यार पावल्या  आनी फ्रेंच शार एव्हियन संवसारीक मुत्सद्देगिरीचें केंद्र जालां
- जी-7 राश्ट्रांनी भारता सयत जायत्या भागीदार देशांच्या सहकार्यान जागतीक भलायकी आनी उदरगत सहकार घटमूट करपा खातीर उपक्रमांची माळ जाहीर केल्या
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षतेखाला  जाले बसकेत 'किशाऊ बहुउद्देशीय धरण प्रकल्प' विशीं स राज्यां मदीं एकमत जाली.
- अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघान काल 'AIFF अंडर-17 बायलां युथ लीग'ची पयली आवृत्ती जाहीर केली